# लोकसाहित्याक पोसवण दिवपी 'ग्रामा-लोक' कार्यावळी गांवागांवांनी जावच्यो: प्रा. दिलीप धारगळकार



ग्रामा-लोक कार्यावळींत अध्यक्षीय उलोवप करतना प्रा. दिलीप धारगळकार. कुशीक डॉ. भुषण भावे, लाडू परवार आनी राजेंद्र चोपडेकार

■ भांगरभूंय । खबरां मेज

**पणजी:** आमच्या दर एका मांडार लोकसंस्कृतायेचो खजानो शिपडिल्लो आसा. धालो, फुगडी, झेमाडो, होंवयो, जत, सोकारत सारके लोकवेदाचे तरेकवार नमुने ताची जिवंत गवाय आसा. आयच्या काळार हें लोकसंचीत संकलीत करतना तें आसा तेच अवस्थेंत ध्वनीमुद्रीत वा लिपीबद्ध जावपाक जाय कारण एका काळावेल्या लोकजिवनाचे ते वास्तवीक उस्वास आसात. महाराष्ट्रांत जे प्रमाण बहिणाबाई चौधरी हांणी बायलांच्या काळजांतल्या उमाळ्यांक शब्दरूप दिवन थळावे अस्तुरेची व्यथा मांडली ताचे परसूय आमच्या भयणुलांनी आपल्या काळजांतले बरे-वायट उत्फर्के भोव तिव्रतायेन मांडल्यात. देखून धालो, फुगडी वा होंवयो रचपी आमचीं अनामीक भयणुलां हेरां परस वरचड आसात. ह्या असल्या लोकसाहित्याचो प्रचार आनी प्रसार करपाक साहित्य अकादेमीन 'ग्रामालोक' सारक्यो कार्यावळी गांवागांवांत आयोजीत करच्यो अशें आवाहन लोकसाहित्याचे अभ्यासक प्रा. दिलीप धारगळकार हांणी केलें.

ग्रामीण लोकसंस्कृतायेंतल्या मौखीक लोकसाहित्याक आनी तें मुखार व्हरपी लोककलाकारांक उर्बा दिवपी 'ग्रामा-लोक' हे दिल्लीच्या साहित्य अकादेमीच्या खाशेल्या कार्यावळींत ते मुखेल अध्यक्ष ह्या नात्यान उलयताले. ह्या वेळार तांचे वांगडा साहित्य अकादेमीचे कोंकणी सल्लागार समितीचे निमंत्रक डॉ. भुषण भावे, लोककलाकार लाडू परवार आनी आयोजक राजेंद्र चोपडेकार हाजीर आशिल्ले.

ही कार्यावळ 22 डिसेंबराक ह्या दिसा हातुर्ली मयां हांगा चंद्रकांत चोपडेकार हांच्या आंगणांत जाली. साहित्य अकादेमी आनी सारा क्रिएशन, मयें हे संस्थेच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ले कार्यावळीचो आरंभ बाय सारा चोपडेकार हांणी गायिल्ल्या 'गांव रे गांव' ह्या गीतांतल्यान जालो. बाय रेशम चोपडेकार ह्या भुरग्याचे हस्तुकी पारंपारीक दिवज पेटोवन कार्यावळीचें उक्तावण जालें. सुरवेक आयोजक राजेंद्र चोपडेकार हांणी येवकाराचें उलोवप केलें. ह्या वेळार साहित्य अकादेमी वतीन डॉ. भुषण भावे हांचेंय उलोवप जालें. दिल्लीची साहित्य अकादेमी 'ग्रामालोक' सारके कार्यावळींतल्यान देशाच्या विंगड विंगड वाठारांनी आनी गांवागांवांनी वचून थळाव्या लोकसंस्कृतायेक उर्बा दिवपी उपक्रम राबयता. ह्या उपक्रामांचो लाव आमच्या लोककलाकारांनी घेवन लोकवेदाच्या तरेकवार रूपांची जतनाय घेवची अशी विनवणी तांणी केली.

गोंयच्या लोकसाहित्याची गिरेस्त परंपरा दाखोवपी हे सुपुल्ले कार्यावळींत उक्तावणा उपरांत हातुर्लीच्या श्री सांतेरी धालो मंडळा वतीन 'धालो गीत-नृत्याचें' सादरीकरण तशेंच थळावे लोककलाकार लाडू परवार हांचे वतीन गोंयच्या पारंपारीक लोकगीतांची प्रस्तुती जाली. दोनूय सादरीकरणाक उपाट प्रतिसाद मेळ्ळो. हे कार्यावळींत सादर जाल्ल्या लोकगीतांचें संकलन करून तें पुस्तिकेच्या रुपांत प्रसिद्ध करपाचे नदरेन पार्वतीबाई चौगुले म्हाविद्यालयाचे शिक्षक डॉ. गुणाजी देसाय, डॉ. हनुमंत चोपडेकार, शुभा बरड आनी विद्यार्थी उपस्थीत आशिल्ले.

थळाव्या ग्रामस्थांची आनी ल्हाना व्हडांचो उपाट प्रतिसाद लाबिल्ले हें कार्यावळीचें सुत्रसंचालन सखी चोपडेकार हांणी केलें जाल्यार उपकार रुपेश लिंगडकार हांणी मानले.